# बायलमनीस ही सोंसणिकायेचे रूप - राज्यपाल

ता. 12 फेब्रूवारी 2018
23 माघ 1939

दादलो आनी बायल हे मानवी समाजाचे म्हत्वाचे घटक आसा. दोगाकय समान म्हत्व आनी दर्जो आसा. बायलमनीस ही सोंसणिकायेचे रूप जावन आसा. रचणा-याना बायलमशेंक कांय योग्यतायेची देणगी दिल्ली आसा, म्हूण ती दादल्यापरस वेगळी आसा. ते खातीर बायलमनशेची काळजी घेवप, तीच्या आत्मसन्मानाची राखण करप हे समाजाचे कर्तव्य आसा, अशें राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी दोनापावला हांगा गोंय विद्यापिठान गोवा इंटरनॅशनल सेंटराच्या विद्यमान आयोजीत केल्ल्या 'प्रत्येकाच्या फायद्याखातीर लिंग समानताय' ह्या विशयावयल्या तीन दिसाच्या परिशदेचे उक्तावण केले उपरांत उलयताना सांगले.

आमी बायलमनशेकडेन एक वस्त म्हूण वा उणाकपणाच्या भावनेन पळोवक जायना अशें सांगून राज्यपालान ह्या परिशदेत बायलांची सुरक्षा, आत्मसन्मान अशां वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा जावन सकारात्मक विचार मुखार येतले, अशी आस्तय उक्तायली.

सुरवेंक गोंय विद्यापिठाचे उपकुलगूरू प्रो. वरूण साहनी हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो, जाल्यार रजीस्ट्रार प्रो. वाय. व्ही. रेड्डी हांणी निमणे उपकार मानले.